**राज्यपालाकडल्यान गुरू नानक जयंतीनिमतान परबीं**

ता. 4 नोव्हेंबर 2025

राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी गुरू नानक देवजींच्या जयंतीनिमतान गोंयच्या गोंयच्या सगळ्यां लोकांक आनी खास करून  शीख बांधवांक काळजासावन उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, “शीख धर्माचे संस्थापक गुरु नानक देवजी हांणी मोग, समानताय, शांतीकाय आनी ईश्वर भक्तीचो संदेश दिलो. ईश्वर हो फकत एक आसा आनी सगळीं मानवजात धर्म, जात-पात भेदभावाविना ईश्वरा मुखार समान आसा, हाची शिकवण तांणी दिली.  ईश्वर एकतेचो आनी मनीसजातीच्या एकवटाचो संदेश संवसारभरातल्या पिळग्यांक सतत प्रेरणा दिता.

ह्या उत्सवाच्या प्रसंगार समस्त गोंयच्या लोकांनी गुरू नानक देवजींच्या शाश्वत ईश्वरी शिकवणी कडेन स्वता समर्पित जावपाचो हांव उलो मारता. मोग, दया आनी आपलेपणाची भावना वाडोवन गरजू आनी गरीबांच्या जीणेत खुशालकाय हाडपाक आमी समर्पित जावया”, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/    / विगां/ 2025/852

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.